## शाळांच्या भुरग्यांवरवीं सोर्तीं/लॉटरी विकपाक बंदी लागू करपाचो आदेश

ता. 14 मार्च 2024

शाळांखातीर निधी जमा करपाक शाळांतल्या भुरग्यां वरवीं सोर्तीं/लॉटरी विकपाक बंदी लागू करपाचो आदेश दिवपाची शिफारस गोंय राज्य बाल हक्क संरक्षण आयोगान शिक्षण खात्याक केल्या. शिक्षण खात्यान सगळ्यां शिक्षणीक संस्थांक अशें करपाचे बंद करपाक सांगचे आनी भुरग्यांचे भोळेपण आनी हक्कांचे संरक्षण करपाक सांगचे.

शाळांखातीर निधी जमा करपाक शाळांतल्या भुरग्यां वरवीं सोर्तीं/लॉटरी विकपा संबंदीत आयोगाकडेन अनेक कागाळीं आयिल्ल्यो आसात. एखादो विद्यार्थी शाळेन सोर्तीं/लॉटरी विकपाची दिल्ली मोख पुर्ण करपाक शकलो ना जाल्यार त्या भुरग्याचेर दबाव येता आनी भुरग्याच्या शिक्षणाचेर वायट परिणाम जाता.

गोंय राज्य बाल हक्क संरक्षण आयोग भुरग्यांच्या हक्कांचे संरक्षण करपाक बादिल आसा आनी त्या खातीर अनेक उपाय करपाचे काम करता.
म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/181

-----------------------------------------------------------------------------------------------
Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan, Panaji – Goa.